Panaji Regional 20th May 2026 7.25am

Rashmi –
गोंयच्या खण क्षेत्रांत परतून गती मेळपाक लागल्या आनी 18 खनिज ब्लॉक लिलाव जाल्यात, जातुतल्यान अदमाशी 19 एमटीपीए उत्पादन क्षमता आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांण म्हळा. उण्या दर्ज्याच्या धातुचो शास्त्रीय वापर, पर्यावरण-अनुकूल येरादारी आनी  गोंयच्या पर्यावरण आनी पर्यटन बळग्या वांगडा खण वाड समतोल आनी शाश्वत पध्दतीन  दवरपाचेर गोंय सरकारान लक्ष केंद्रीत  केला अशे सावंत हांण म्हळा. २०१२ वर्सा गोंयचो खण वेवसाय बंद जाल्या उपरांत  गोंयाक सामाजिक तशेचं  अर्थिक  पावंड्यार  फटको बशिल्लो. मात आता शासव्त पध्दतीन खण वेवसाय  परत सुरु करपाक सरकार  महत्व दिता अशे तांणी सांगले. Byte

Ganesh –
जुंता हावज, सरकारी क्वॉटर्स तशेंच पणजेतल्या हेर प्रकल्प इमारतींची उंचाय वाडोवपा खातीर मंत्रीमंडळान एफएआर वाडोवपाक मान्यताय दिल्या. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. जुंता हावज इमारत मोडून ते सुवातेर नवी इमारत बांदपाच्या कामाची निविदा जारी जाल्या. जुंता हावज इमारतींत जी कार्यालयां आसात तांचे स्थलांतरण जातलें. तशेंच दुकानां आनी वेवसायीक आस्थापनांक लेगीत जागो खाली करपाच्याे नोटिसो जारी जाल्यात.
श्री श्री रवीशंकर हांच्या जल्मदिसा निमतान बंगळुरूंतल्या आश्रमांत व्हड कार्यावळ जातली. हे कार्यावळीक हाजीर रावपा सयत श्री श्री रवीशंकर हांकां परबीं दिवपा खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आयज बंगळुरूंतल्या आश्रमाक भेट दितले. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली.

Ganesh –
राज्यात दर वर्साप्रमाण अंदू 31मेच्या मध्यरात्री सावन नुस्तेमारी बंदी लागू जातली. जून आनी जुलय हे दोन म्हयने ही बंदी आसतली, अशें नुस्तेमारी खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी सांगलें. नुस्तेमारी बंदीच्या कार्यवाये खातीर खर गस्त दवरपाची वेवस्था आसतली, अशें तांणी सांगलें.

गोंय दर्यो नुस्तेमारी नियमन कायदो 1980 प्रमाण ही बंदी लागू जाता. ट्रॉलर वा यांत्रिक बोटीमार्फत नुस्तेमारी करपाचेर बंदी आसता. होडी वा 10 एचपी मोटराचेर चलपी यांत्रिक होड्यामार्फत मात नुस्तेमारी करपाची मेकळीक आसता.

PIB –
तेल आनी वायू क्षेत्राचेर परिणाम करपी सद्याच्या जागतिक अनिश्चिततेच्या फाटभूंयेर लेगीत, पुराय गोयांत पेट्रोल, डिझेल आनी लिक्विफाइड पेट्रोलियम गॅस (एलपीजी) ची पुरवण आनी वितरण अखंडितपनान सुरू आसा अशें सांगून इंडियन ऑइल कॉर्पोरेशन लिमिटेड, भारत पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड आनी हिंदुस्तान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन लिमिटेड या सार्वजनिक क्षेत्रातल्या तेल विपणन कंपन्यांनी नागरिकांक आश्वासन दिला.

तेल विपणन कंपन्यांनी जारी केल्ल्या एका संयुक्त प्रसिद्धीपत्रका प्रमाण, राज्यांतले टर्मिनल्स, डेपो, एलपीजी बॉटलिंग प्लांट्स आनी किरकोळ विक्री केंद्रांच्या आपल्या विस्तृत नेटवर्क वरवीं इंधनाची अखंड उपलब्धता सुनिश्चित करपाक तेल उद्देग पुराय तरेन सज्ज आसा.

सगळ्या किरकोळ विक्री केंद्रांचेर इंधन वितरणाचे काम सुरळीतपणान सुरू आसा आनी विहित सुरक्षा तशेंच परिचालन नियमांचें काटेकोरपणान पालन करून खंयच्याच निर्बंधांशिवाय पुरवण केरतात, अशें या कंपन्यांनी सांगलां.

CCP –
पणजी महापालिके कडल्यान 2026-27 वर्सा खातीर 107.17 कोटी रुपयांच्या अर्थसंकल्पाक मान्यताय दील्या अशी म्हायती पणजी म्हापालीकेचे आयुक्त क्लेन मदेरा हांणी दील्या. म्हापालीकेन येणे बऱ्या प्रमाणात वसुल केल्ल्या कारणान हे फावट पणजी म्हापालीकेकडे अतिरीक्त निधी आसा अशे तांणी म्हणला. सुमार 25 कोटी रूपयाची भौशिक उदरगतीची कामा ह्या अर्थिक वर्सात पणजी म्हापालीकि करतली अशी म्हायती तांणी दीला.
पणजी म्हापिलीकेचे मेयर रोहीत मोन्सेरात हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज पणजे म्हापालीकेची अर्थसंकल्पिय बसका जाल्या उपरांत ते उलयताले.

Weather –

20 मे ते 23 मे मेरेन राज्यांत विजांच्या गडगडाटा सयत पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. ते प्रमाण हवामान खात्यान आयज राज्यांत पावसाचो येलो अलर्ट जारी केला. मंगळारा पणजेंत चडांत चड तापमान 32.4 अंश आनी उण्यांत उणें 26.9 अंश सेल्सियस नोंद जाला.

IPL –

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत आज कोलकातातल्या ईडन गार्डन्सांत कोलकाता नाइट रायडर्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदीं खेळ जातलो. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

ही आसा एक कळोवणी ....

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या खबरा विभागा वरवी ‘खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर ,पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी- इंग्लीश अणकार करपाचें कसब ,प्रसारणाखातीर योग्य आवाज जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 1 जून २०२६ आसा. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 हया क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com हया ई-मेलाचेर संपर्क करचो.